# उद्देग/वेवसाय करप सुलभ करपा खातीर G2B सेवा इकोसिस्टमात बदल

ता. 28 ऑगस्ट 2024

गोंय राज्यांत उद्देग/वेवसायांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर गोंय गुंतवणूक प्रोत्साहन आनी सुविधा मंडळ हे गोंय सरकारची राज्य नोडल एजन्सी आसा. मंडळावतीन राज्यांत बिजनेस रिफॉर्म्स ऍक्शन प्लॅन (BRAP) अंतर्गत सुदारणांची अंमलबजावणी करपात येता. देशांत आनी संबंदीत राज्यां/केंद्रशासित प्रदेशांनी बिजनेस इकोसिस्टम वाडोवपा खातीर उद्देग प्रोत्साहन आनी अंतर्गत वेपार (DPIIT) विभागान वेवसाय सुलभता 2024 च्या अंमलबजावणी खातीर खास निर्देश जारी केल्यात. ह्या निर्देशा प्रमाण गोंय सरकारान G2B सेवा इकोसिस्टमात सकयले प्रमाण बदल केल्यात.

युनिक बिजनेस आयडेंटिफायर म्हूण पॅन नंबराची सक्ती- युनिक बिजनेस आयडेंटिफायर म्हूण पॅन नंबर सक्तीचो केला. गोवा-ऑनलाइन पोर्टलाचेर वेवसाय नोंदणी करपाक तशेंच सरकार आनी वेवसाय सेवांनी पारदर्शकता, सुलभता, कार्यक्षमता आनी जापसालदारकी हाडपा खातीर पॅन अनिवार्य आसा. G2B सेवा क्लिअरन्स, मंजुरी, नूतनीकरण, एनओसी आनी वेव्हारा खातीर पॅन आवश्यक आसा.

नो युवर ऍप्रूव्हल्स- गोंयांत नवीन उद्देग/वेवसाय सुरू करपाक इत्सुक वेवसायिकां खातीर सिंगल विंडो पद्दतीत ऑनलाइन विझार्ड वा नो युवर ऍप्रूव्हल्स सेवा सुरू केल्या. तशेंच ऑनलायन डॅशबोर्ड सुविधा सुरू केल्या. वेवसायिकांक आवश्यक म्हायतीची देवाण घेवाण करपाक ही सेवा म्हत्वाची आसा.

गोंय सरकारान राज्यातल्या उद्देगीक विकासा खातीर उत्पादन क्षेत्रात- वैजकीय उपकरणां, वखदां आनी फार्मास्युटिकल्स, इलेक्ट्रॉनिक / तंत्रज्ञान उत्पादनां, नुस्तेमारी , कृशी, अन्न प्रक्रिया, लॉजिस्टिक, ऑटो, सेवा, आयटी, रिटेल, ई-कॉमर्स, पर्यटन आनी आदरातिथ्य, फिन टेक अशां उद्देग/वेवसायांक प्राधान्य दिल्ले आसा.

उद्देग/वेवसाय सुरू करपाची मंजुरी आनी हेर प्रक्रिया पुर्ण करपी संबंदीत विभागांनी आपली म्हायती गोवा-ऑनलाइन आनी गोवा-IPB पोर्टलाचेर अपलोड करपाची गरज आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/447

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.